राष्ट्रीय खबरो  १६.०१.२०२६ @ ८.४० AM

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपांत ‘स्टार्टअप इंडिया’ उपक्रमाच्या 10व्या वर्साच्या सुवाळ्याक हाजीर रावपाचे आसात.
- नुस्ते पालन आनी नुस्ते शेतीक्षेत्रांत सहकार आनीक घटमूट करपा खातीर भारत आनी इझ्राएल हांणी संयुक्त मंत्रीस्तरीय इरादा पत्राचेर सय केल्या
- आंतरराष्ट्रीय नाणेनिधी (IMF) न म्हणला की भारत हो जागतिक अर्थव्यवस्थे खातीर एक प्रमुख विकास इंजिन आसा.
- भारतीय वेचणूक आयोग (ECI)न गोवा, लक्षद्वीप, राजस्थान, पुडुचेरी आणि पश्चिम बंगालात मतदार वळेरीच्या चालू आशिल्या विशेष सघन पुनरावृत्ती (SIR) चे वेळापत्रक १९ जानेवारी मेरेन वाडयला

स्टार्टअप 110

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 16 जानेवारी 2016 क नवनिर्माणाक चालना दिवपाक, उद्देजकतेक प्रोत्साहन दिवपाक आनी गुंतवणूक फुडारपणा खाला वाड करपाक सक्षम करपाक एक परिवर्तनकारी राष्ट्रीय कार्यावळ म्हणून स्टार्टअप इंडिया सुरू केलें. भारत नोकरी सोदप्यांचो देश करी नास्ताना  नोकरी निर्माण करपी देशांत रुपांतर करपाचो हे उपक्रमाचो हेत आसा. भारत २०३० मरेन ७.३ ट्रिलियन डॉलर अर्थवेवस्थे कडेन आनी ‘विकसीत भारत २०४७’च्या व्यापक **दृ**ष्टिकोनाकडे वाटचाल करत असताना,स्टार्टअप देशाच्या उदरगत प्रवासाच्या केंद्रस्थानी आसपाक तयार आसात. ह्या फाटभुयेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपांत ‘स्टार्टअप इंडिया’ उपक्रमाच्या 10व्या वर्साच्या सुवाळ्याक हाजीर रावपाचे आसात. ह्या वेळार प्रधानमंत्री भारताच्या चैतन्यपूर्ण स्टार्टअप इकोसिस्टमाच्या वांगड्या कडेन संवाद सादतले. तशेंच वेंचून काडिल्ले स्टार्टअप प्रतिनिधी आपल्या उद्देजक प्रवासांतल्यान मेळिल्ले अणभव सांगतले.

Pm army

लश्कर दिसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारतीय लश्कराच्या धैराक आनी खर वचनबद्धतेक मानवंदना दिली. देशाचे सैनिक निस्वार्थी सेवेचें प्रतीक म्हणून खंबीरपणान उबे रावतात, राष्ट्राची राखण करतात, कांय वेळार चड आव्हानात्मक परिस्थितींकी तोंड दितात अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी आपल्या संदेशांत म्हणलां. Byte

ब्लू फूड

नुस्ते पालन आनी नुस्ते शेतीक्षेत्रांत सहकार आनीक घटमूट करपा खातीर भारत आनी इझ्राएल हांणी संयुक्त मंत्रीस्तरीय इरादा पत्राचेर सय केल्या. इझ्राएलांत जाल्ल्या 'ब्लू फूड सेक्युरिटी: सी द फ्यूचर 2026' ह्या दुसऱ्या जागतीक परिशदे वेळार हे घोशणापत्राचेर हि सय जाली. मत्स्यव्यवसाय, पशुसंवर्धन आणि दुग्धव्यवसाय मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की, हे घोषणापत्र प्रगत मत्स्यशेती तंत्रज्ञान, जबाबदार नुसतेमारी पद्धती आणि क्षमता बांधणी या क्षेत्रांमधल्या संयुक्त संशोधन आणि विकासार लक्ष केंद्रित करता .

इझ्राएल

तेल अवीवांतल्या भारतीय दूतावासान वाठारांतली सध्याची परिस्थिती पळोवन भारतीय नागरिकांक इझ्राएलांत अनावश्यक प्रवास टाळपाचो सल्लो दिला. ते भायर इझ्राएलांतल्या सगळ्या भारतीय नागरिकांक सादूर रावपाचो आनी इझ्राएलाच्या अधिकाऱ्यांनी आनी होम फ्रंट कमांडान जारी केल्ल्या सुरक्षा मार्गदर्शक तत्वांचो आनी नेमांक खरपणान पाळो दिवपाचो सल्लो दूतावासान दिला. खंयचेय आणीबाणीच्या वेळार भारतीय नागरिकांनी भारतीय दूतावासाच्या 24x7 हेल्पलायन क्रमांकाचेर संपर्क करूं येता अशे सांगला

IMF

आंतरराष्ट्रीय नाणेनिधी (IMF) न म्हणला की भारत हो जागतिक अर्थव्यवस्थे खातीर एक प्रमुख विकास इंजिन आसा. तिसऱ्या तिमाहीत भारताची आर्थिक वाढ अपेक्षेपेक्षा चड मजबूत आशिल्याचे IMF न नमूद केले. पत्रकार परिषदेत उलयताना IMF ची कम्युनिकेशन्स विभागाची संचालक ज्युली कोझॅक हाणी म्हणले की, भारताची वाढ अजूनय मजबूत आसा आणि ती व्हडा प्रमाणात मजबूत देशांतर्गत वापराकलागुन चलता. IMF ने हाचे आदी 2025-26 आर्थिक वर्षा खातीर भारताची वाढ 6.6 टक्के उरपाचो अंदाज उक्तायल्लो. हालीची कामगिरी अपेक्षे परस बरी आशिल्यान IMF भारता खातीर आपलो विकास अंदाज सुधारतलो अशी शक्यता वाढता अशेय म्हणला

EC

भारतीय वेचणूक आयोग (ECI)न गोवा, लक्षद्वीप, राजस्थान, पुडुचेरी आणि पश्चिम बंगालात मतदार वळेरीच्या चालू आशिल्या विशेष सघन पुनरावृत्ती (SIR) चे वेळापत्रक १९ जानेवारी मेरेन वाडयला. या सयत, मतदार या महिन्याच्या १९ तारखे मेरेन दावे आणि हरकती दाखल करू शकतात.  राज्य आणि केंद्रशासित प्रदेशांच्या मुख्य वेचणूक अधिकारी (CEOक बर यल्या पत्रात, वेचणूक आयोगाने म्हणला की संबंधित मुख्य कार्यकारी अधिकाऱ्यांची विनवणी आणि हेर संबंधित घटकांचो विचार करून सुधारित वेळापत्रक निश्चित केला. दावे आणि हरकती दाखल करपाच्या कालावधीत वाढ करण्याबाबत व्यापक प्रसिद्धी सुनिश्चित करपाचे निर्देशय ECI न मुख्य कार्यकारी अधिकाऱ्यांक दिल्यात

राजनाथ

सैन्याच्या आधुनिकीकरणा खातीर खुपशो सुधारणा अंमलात हाडल्यात आणि व्हड संघटनेत अशे बदल आव्हानात्मक आसले तरी आवश्यक आसात अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी म्हणला. भारत २०४७ मेरेन जगातल्या सगळ्यात मजबूत सशस्त्र दलांपैकी एक करपाक स्पष्ट रोडमॅपसयत मुखार वता अशे ताणी सांगले. जयपूरच्या सवाई मानसिंग स्टेडियमात शौर्य दिवस कार्यक्रमात ते उलयताले. त्यांनी भारतीय सैन्याच्या राष्ट्रा खातीरच्या अढळ सेवेबद्दल कृतज्ञता व्यक्त केली.

जागतिक सुरक्षा वातावरणार उजवाड घालताना, त्यांनी आधुनिक, सुसंघटित आणि तंत्रज्ञानार आधारित सैन्याची आवश्यकतेचेर भर दिलो. त्यांनी सांगले की ऑपरेशन सिंदूर अजूनय चालू आसा आणि दहशतवादाची मानसिकता पुरायपणान नष्ट जाय मेरेन शांतता प्रस्थापित करपाक भारताचे प्रयत्न सुरूच उरतले.

बिर्ला

संसदीय संबंध मजबूत करपाक लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला यांनी मलावीच्या राष्ट्रीय असेंब्लीचे अध्यक्ष समीर सुलेमान हांचे कडे संवाद साधलो. यावेळर त्यांनी भारत-मलावी संबंध मजबूत आणि वाढत्या प्रमाणात आणि संसदीय संस्थांची प्रतिष्ठा, विश्वासार्हता आणि प्रभावीपणा वाडोवपाच्या सामायिक वचनबद्धतेर उजवाड घालो. राष्ट्रकुलच्या सभापती आणि अध्यक्षांच्या परिषदेच्या निमित्तान, त्यांनी संसदीय संस्थांची प्रतिष्ठा, विश्वासार्हता आणि प्रभावीपणा वाडोवपाक त्यांच्या वचनबद्धतेचे आकलन केले. सोशल मीडिया पोस्टत, बिर्ला हानी म्हणले की दोन्ही फुडार्यांनी द्विपक्षीय संबंध आणि संसदीय सहकार्य आनीक मजबूत करपाक आणि एकमेकांच्या लोकशाही अनुभवांतल्यान शिकत रावपाक सहमती दर्शयल्या

जेईई

अस्तंत बंगालांत 23 जानेवारी क  जावपी जेईई (MAIN) 2026 सत्र 1 परिक्षेंत हाजीर रावपी सगल्या उमेदवारांक जाहीर केल्ल्या तारखांपैकी दुसरी तारीख दितले अशें राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी NTA न निर्णय घेतला .

AMIT SHAH

केंद्रीय घरमंत्री  अमित शाहा हाणी  गुजरातांतल्या अहमदाबाद शारांत गुजराती भाशेंत उजवाडायल्ल्या आदिशंकराचार्यजीच्या पुस्तकांचो संग्रह प्रकाशित केलो. पालडीच्या टागोर हॉलांत जाल्ल्या आदिशंकराचार्य समाग्र ग्रंथावलीच्या मुक्ती

सुवाळ्याक उलयताना ह्या संग्रहाचें संपादन आनी प्रकाशन हें गौतम पटेलाच्या जिवितांतलें सगळ्यांत व्हडलें काम अशें तांणी म्हणलें. मंत्री शाहा हाणी  स्वामी अखंडानंदजीचोय उगडास करून राज्याचें सामुहीक पात्र उबारपाक आपलें योगदान म्हत्वाचें थारलां अशें सांगलें.BYTE  गुजराती भाशेंत अणकारीत केल्लें विवेक चूडामणी हें पुस्तक  एक फावट वाचचें अशेंय तानी  तरणाट्यांक आवाहन केलें.

हज

कायदेशीर औपचारीकताय पुराय करपाक अतिरिक्त वेळ मागपी हाज यात्रेकरु आनी हेर संबंदीत घटकांनी दिल्ल्या निवेदनां उपरांत अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्रालयान सल्लागार जारी केला. मंत्रालयान आपल्या निवेदनांत ह्या म्हयन्याच्या 25 तारखे मेरेन एक-वेळची अंतिम मुदतवाढ दिल्या आनी खंयचेच परिस्थितींत फुडली मुजत वाड दिवचे  ना अशें जाहीर केलां.

पतंग

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत तिसऱ्या आंतरराष्ट्रीय पतंग महोत्सवाचें उक्तावण करतले. ही कार्यावळ बांसेरा पार्काच्या गवताळ प्रदेशात जातली. ह्या काऱ्यक्रमाक दिल्लीचे नायब राज्यपाल विनय कुमार सक्सेना भोवमानाचे सोयरे आसतले. दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुप्ताय ह्या कार्यावळीक हाजीर रावतली. डीडीए हे संस्थेन हो महोत्सव आयोजीत केला.

सांस्कृतीक कार्यावळी आनी लोकांचो सहभाग वाडोवप हो हेतू आसा. पतंग महोत्सव पळोवपाक व्हड प्रमाणांत पर्यटक येवपाची अपेक्षा आसा.

स्पोर्ट्स

काल झिंबाब्वेच्या बुलावेयो हांगाच्या क्वीन्स स्पोर्ट्स क्लबांत आयसीसी दादल्यांच्या 19 वर्सां सकयल्या क्रिकेट विश्वचषक 2026 च्या सुरवातीच्या मॅचींत भारतान अमेरिकेक डीएलएस पद्दती प्रमाण 6 गडे राखून हारयले. पयली फलंदाजी करून अमेरिकेचो पंगड 35.2 षटकांनी फक्त 107 धांवड्यो करून ऑल आउट जाले .

आयज नवी दिल्लींत जावपी इंडिया ओपन बॅडमिंटन सर्तीच्या दादल्यांच्या एकोडी उपांत्यपूर्व फेरयेत भारताचो अव्वल बॅडमिंटनपटू लक्ष्य सेन आनी चीनी ताइपेचो लिन चुन-यी हांचे मदीं खेळ जातलो. हाचे आदीं इंदिरा गांधी इंडोर स्टेडियमाचेर जाल्ल्या सोळाव्या फेरयेंत लक्ष सेनान जपानाच्या केंटा निशिमोटोक सरळ खेळांत हारयलो

वेदर

दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, उत्तराखंड आनी उत्तर प्रदेशांत दाट ते सामके दाट धुक्याची परिस्थिती खातीर आयज भारतीय हवामान खात्यान ORANGE अलर्ट जारी केला.